# मुख्यमंत्र्याकडल्यान रामनमीची परबीं

ता. 20 एप्रिल 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी रामनमीच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक ह्नह्नीत परबीं भेटयल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, रामनम म्हळ्यार श्रीरामाचो जल्म दीस सुवाळो जो देशांत सगळीं कडेन हिंदू समाजातले लोक व्हडा उमेदीन आनी धर्मीक भावनेन मनयतात. श्रीराम हे शांतीकाय, सलोखो आनी सद्‌गुणांचे मुर्तरूप आसा. सध्या देशांत कोरोनाचो संसर्ग नेटान पातळपाक लागिल्ल्यान ह्या वर्सा रामनमीचो सुवाळो आमी सुरक्षा शिश्टाचारांक पाळो दिवन मनोवया.

रामनमीच्या सुवाळ्यातल्यान वेगळ्या वेगळ्या भावार्थाच्या लोकांमदी एकजूट आनी इश्टागतीचे नाते मजबूत जाव आनी हो सण सगळ्यांच्या जीणेत शांतीकाय आनी समृध्दी घेवन येव, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/418

--

Issued by Department of Information & Publicity